# देशभर “मेरी माटी, मेरा देश” मोहीम राबोवपात येतली

ता. 27 जुलय 2023

भारत देशान आपल्या स्वतंत्रतायेची 75 वर्सां पुराय केल्यात आनी पंचप्राणाच्या भावनेने अमृत काळाकडेन वाटचाल करपाक देश सज्ज आसा. एका नव्या युगाची सुरवात करपाखातीर स्वातंत्र्य चळवळीतले स्वातंत्र्य सैनिक आनी देशाच्या स्वतंत्रताये खातीर हुतात्मे जाल्ल्या म्हान फुडाऱ्यांचो उगडास करपाची राष्ट्रव्यापी मोहीम तशेंच मानादीक पंतप्रधानांच्या पंचप्राण कार्यक्रमाविशीं लोकांक संवेदनशील करून अमृतकाळा खातीर सज्ज करपाच्या उद्देशान देशात “मेरी माटी, मेरा देश- मिट्टी को नमन, वीरो का वंदन” ह्या कार्यक्रमाचे आयोजन करपाचे थारायला. राष्ट्रीय पावंड्यावयल्या ह्या मोहिमेत देशातल्या प्रत्येक ग्रामपंचायतीचो आस्पाव आसतलो आनी ऑगस्ट म्हयन्यात नवी दिल्ली हांगा आयोजीत करपात येवपी मेगा इव्हेंटात देशभरातल्या 75,000 युवकांचो सहभाग आसतलो.

“मेरी माटी, मेरा देश- मिट्टी को नमन, वीरो का वंदन” ही मोहिम भारत मातेच्या शौर्याचो आनी स्वातंत्र्याचो उत्सव आसा. तशेंच देशाच्या प्रगतीच्या वाटचालीचो उगडास करून दिवपी आसा. देशभरातल्या पंचायत वाठारांतल्यान माती एकटाय करून ती नवी दिल्लीतल्या कर्तव्य पथा वयल्या स्मारकाकडेन हाडून देशाखातीर सर्वोच्च बलिदान दिल्ल्या शुरवीरांक श्रद्धांजली ओपतले तशेंच अमृत वाटिका तयार करपाक वापरपात येतली.

9 ते 15 ऑगस्ट 2023 मेरेन पंचायत, नगरपालिका आनी कॅन्टोन्मेंट वाठारांनी विविध कार्यक्रम आयोजीत करपात येतले. पंचायत पावंड्यार “सिलाफलकम समर्पण,” सारखे कार्यक्रम आयोजीत करपात येतले, ज्या थळार देशाखातीर निसुवार्थ सेवा केल्ल्या आनी सर्वोच्च बलिदान दिल्ल्या शुरवीरांक आर्गां ओपपात येतली. जातूंत स्वातंत्र्य सैनिक, सेवेत कार्यरत आशिल्ल्या आनी सेवानिवृत्त संरक्षण कर्मचारी, केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळ आनी राज्य पुलीस आदी सेवकांचो आस्पाव आसतलो. मातयेची पणटी पेटोवन वा हातांत माती घेवन सोपूत घेवप, सेल्फी घेवप, पंचायत वाठारांत वसूधा वंदन कार्यक्रम आयोजीत करून दीर्घकाळ जगपी देशी झाडांचे रोपे लावप, वीरों का वंदन, कार्यक्रम आयोजीत करून संरक्षण जवान/सीएपीएफ/स्वातंत्र्यसेनानी/ शूरवीरांच्या कुटुंबीयांचो थळाव्या परंपरे प्रमाण सत्कार, ध्वजवंदन, राष्ट्रगीत अशें कार्यक्रम पंचायतींनी जातले.

तशेंच मिट्टी यात्रा आयोजीत करून युवा स्वयंसेवक आनी हेर गावांगावांतल्यान माती एकटाय करून पंचायतीत हाडटले आनी ही माती पंचायतीतल्या कार्यक्रमा उपरांत ब्लॉक पावंड्यावयल्या कार्यक्रमाच्या थळार हाडून कळशात घालून दिल्ली व्हरतले. युवा कार्य मंत्रालयाच्या नेहरू युवा केंद्र संघटने वतीन ब्लॉक पावंड्यावयल्या कार्यक्रमांचे आयोजन करतले. देशभरातल्या गटांचे प्रतिनिधित्व करपी 7500 तरणाटे नवी दिल्लीत वतले.
27 ते 30 ऑगस्ट मेरेन एकटाय केल्ल्या मातयेचे कळशें दिल्लीच्या कर्तव्य पथार पावतले. 30 ऑगस्ट दिसा दिल्लीतल्या कार्यक्रमात अमृत वाटिकेचे उक्तावण जातले. वाटीकेत थळाव्या जातींच्या झाडांचे रोपे लावप, स्वातंत्र्य सैनिक, फुडारी आनी शुरवीरांक आर्गां ओपपात येतली. अज्ञात सैनिक आनी अज्ञात बलिदानींचो सन्मान करपाखातीर प्रधानमंत्र्यांच्या फुडारपणाखाला खास कार्यक्रम जातलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/593

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.